## उद्देजकांच्यो समस्यां सोडोवपाचे मुख्यमंत्र्यांचे उतर

### गोंयच्या युवकांक नोकरीची सुरक्षा दिवपाचो उलो

**ता. 19 मे 2022**

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयांतल्या उद्देजकांक खाजगी क्षेत्रात काम करपी गोंयांतल्या लोकांक नोकरीची सुरक्षा दिवपाचो उलो मारून उद्देगांक आवश्यक कुशळ मनीसबळ उपलब्ध करपाचे आनी तांच्यो सगळ्यों समस्यां सुटाव्यो करपाचे उतर दिलें. मुख्यमंत्री आयज पणजे गोवा चेंबर ऑफ कॉमर्स एण्ड इंडस्ट्रीच्या बसकेत उलयताले.

बसकेक मुख्य सचीव श्री. पुनीत कुमार गोयल, वीज सचीव श्री. राजशेकर, पर्यटन सचीव श्री. रवी धवन, उद्देग सचीव श्री सी. आर. गर्ग, जीआयडीसीचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. वेनान्सियो फुर्तादो, गोवा चेंबर ऑफ कॉमर्स एण्ड इंडस्ट्रीचे अध्यक्ष श्री. राल्फ डिसोझा, उपाध्यक्ष श्रीनिवास धेंपे आनी हेर उद्देजक उपस्थित आशिल्लें. बसकेत गोंयांतल्या उद्देग क्षेत्रांतल्या म्हत्वाच्या प्रस्नांचेर चर्चा जाली.

गोंय सरकारान आत्मनिर्भर भारत- स्वयंपुर्ण गोंय संकल्पनेचेर भर दिवन गोंयच्या विकासाक प्राधान्य दिल्ले आसा. गोंयांत उद्देगीक वाड जाली जाल्यार ताचो राज्याक व्हड फायदो जातलो. कागाळ निवारण समिती स्थापन केल्ल्यान हे फुडें सरकार आनी उद्देजकांमदी समन्वय वाडटलो आनी उद्देजकांच्यो समस्या सोडोवपाक मदत जातली, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

गोंयांत उद्देगीक क्षेत्रात आजूनय सुधारणा करपाची गरज आसा. गोंयांत वेवसाय करप सोपे जावचे हे खातीर सोपेपणा हाडपाचेर भर दिवपाची गरज आसा, अशें सांगून डॉ.सावंत हांणी हांलीच तेलंगण राज्यांत दिल्ल्या भेटीत थंयचे उद्देगीक मळावयले काम पळोवन आपूण प्रभावित जाल्ल्याचे सांगलें आनी तशी वेवस्था आनी सुविधा गोंयांत लागू करपाचो विचार आशिल्ल्याचे सांगलें.

राज्यांत प्रदूशण न करपी उद्देगांक प्रोत्साहन दिवपाचो आमचो प्रयत्न आमी गोंयची ताक वळखुपाची गरज आसा. आमी सरबराय पर्यटना वांगडाच वैजकीय पर्यटनाचेर भर दिवपाक जाय.  आमी  पर्यटन क्षेत्रात नवीन गजालींचो आस्पाव करपाची गरज आसा. पर्यटन मळार वाड जातली जाल्यार टॅक्सी वेवसायातल्यो समस्या सोडोवपाक जाय. आमी नुस्तेमारी वेवसायाचेर भर सदिवपाक जाय, अशें तांणी सांगलें.

राज्यांत रोजगार निर्मितीची गरज आसून त्या खातीर उद्देजक आनी सरकारान एकवटान प्रयत्न करपाक जाय. भाजीपालो, दुद आनी हेर वस्तू शेजारच्या राज्यांतल्यान हाडच्यो पडटा आनी ताका लागून भरपूर पयसो राज्याभायर वता. हे थांबोवपा खातीर  गोंयांतल्या शेतकारांक शेती वेवसाय करपाक प्रोत्साहन दिवपाची गरज आसा, अशें. मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/362

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji